## रोजगार मेळाव्यात मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं शासकीय सेवेच्या नियुक्ती पत्रांचे वाटप

ता. 19 सप्टेंबर 2025

गोंयच्या तरणाट्यांक रोजगाराच्यो संधी उपलब्ध करून दिवपाक सरकार वचनबद्द आसून फुडल्या दोन वर्सांत गोंय मनीस संसाधन विकास महामंडळा मार्फत 5,000 तरणाट्यांक सरकारी नोकऱ्यांनी आस्पावन घेतले, तशेंच कर्मचारी निवड आयोगा अंतर्गत रोखडीच 2,500 पदांची भरती करपात येतली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कला अकादमी, पणजी हांगा सेवा पखवाडा उपक्रमां अंतर्गत आयोजीत रोजगार मेळाव्यात उलयतना सांगलें.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यक्रमात मुख्यमंत्री सावंत हांणी विवीध सरकारी खातीं आनी संस्थांतल्या पदांखातीर निवड जाल्ल्या 900 परस चड उमेदवारांक नियुक्ती पत्रां भेटयली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे विकसित भारत-2047 चे उद्दिश्ट साध्य करपा खातीर गोंय सरकारान आत्मनिर्भर आनी कुशळ मनीसबळ निर्माण करपाचेर भर दिल्ल्याचें सांगलें. कामातली प्रामाणिकपणा आनी लोकसेवेची वचनबद्दता ही राज्य आनी राष्ट्रीय विकासाची बुन्याद आसून तरणाट्यांनी आपल्या वावरातल्यान विकासाक योगदान दिवपाची गरज आशिल्ल्याचें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

विकसित भारता खातीर केंद्र सरकार नारी शक्ती, युवा शक्ती, किसान शक्ती आनी गरीब कल्याण ह्या गजालींचेर लक्ष केंद्रीत करून काम करता, अशेंय तांणी सांगलें. यांचे महत्त्व पुन्हा सांगितले.

गोंय मनीस संसाधन विकास महामंडळ; शिक्षण खातें; ग्रामीण विकास महामंडळ; पर्यावरण आनी हवामान बदल खातें, जलसंपदा खातें अशां खात्यांतल्या विवीध पदांखातीर नियुक्ती जाल्ल्या उमेदवारांक नियुक्ती पत्रां भेटयली.

ह्या कार्यक्रमाक उदकास्त्रोत मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी येवकाराचे भाशण केले.

समाज कल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय, राज्यसभेचे खासदार श्री सदानंद शेट तानावडे, मांद्रेचें आमदार श्री जित आरोलकर, दिवचलचें आमदार श्री चंद्रकांत शेट्ये, मयेचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट, गोंय मनीस संसाधन विकास महामंडळाचे अध्यक्ष आनी सांताक्रुजचें आमदार श्री रुडोल्फ फर्नांडिस, पणजीचे महापौर श्री रोहित मोन्सेरात, आयुक्त-तथा-सचीव (माहिती आनी प्रसिद्धी) श्री. सरप्रित सिंग गील, माहिती आनी प्रसिद्धी संचालक श्री दीपक बांदेकर आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन श्री गोविंद भगत हांणी केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/764

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.